# एससी/एसटी आयोगाच्या अध्यक्षांची ओपा खांडेपार वाठारांत भेट

ता. 28 जानेवारी 2025

ओपा खांडेपार गांवांतल्या लोकांक तांच्या पारंपरीक मसंडभूंयेत प्रेतदहन करपाक राना खात्याचे अधिकारी आडायतात म्हूण जयवंत आवडो गावडे आनी हेर थळाव्या ग्रामस्थांनी गोंय अनुसुचीत जाती आनी अनुसुचीत जमाती आयोगा कडेन केल्ल्या कागाळी संदर्भात चवकशी करपा खातीर आयोगाचे अध्यक्ष श्री. दीपक करमळकर हांणी हांलीच ओपा खांडेपार गांवांत भेट दिली आनी परिस्थिती जाणून घेतली. थळावें नागरिक फाटल्या अनेक वर्सां सावन सदर सुवातेचो वापर प्रेतदहन करपा खातीर करतात.

श्री. करमळकर हांणी जो मेरेन कागाळीचेर निर्णय जायना तो मेरेन ग्रामस्थांक प्रेतदहन करपाक आडावचे न्हय, असो आदेश राना खात्याच्या अधिकाऱ्यांक दिलो. राना खाते, पंचायत आनी थळाव्या नागरिकांच्या सहमतीन हो प्रस्न सुटावो करपात येतलो, अशें तांणी सांगलें.

उपरानपाल श्री. जे. वार्के, रेंज फॉरेस्ट ऑफिसर दीपक तांडेल, एड. उपासो गांवकार, सुदेश गावडे, कुर्टी खांडेपार पंचायतीचे सरपंच अभिजीत गावडे, जयवंत गावडे आनी हेर ग्रामस्थ ह्या वेळार हजर आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/110

--
-----------------------------------------------------------------------------------------------
Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.